Panaji Regional 15th April 2026 7.25am

CM – 70

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी काल आंबेडकर भवनाच्या बांधकामाचो बुनयादी फातर वच्युअॅल पधद्तीन घालो. एका वर्साभितर भवनाचे काम पुराय जातले अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. ते काल डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांचे १३५वे जयंती निमतान पणजेत डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर उद्यानात आयोजीत केल्ले कार्यावळींत उलयताले. पर्वरे वाठारात २४४४ चौखण मीटर जाग्यात हे आंबेडकर भवन उबारतले. भवनाच्य बांधकामाखातीर सरकार ६ कोटी रुपया खर्च करतले  अशे मुखेलमंत्र्यानी सांगला.

नारी शक्ति वंदन - 40

नारी शक्ति वंदन अधिनियम हो भारताच्या लोकशायेंतलो एक म्हत्वाचो कायदो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

राश्ट्रीय उजो पालोवपी - 145

Burch fire tragedy सारख्यो घडणूक परत जावच्यो न्हय, म्हण पर्यटन मळावेल्या वेवसायीकानी तशेंच हेर उद्दजकांनी लेगीत उजो पालोवपाची यंत्रणा तशेचं हेर सुविधा दवरप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हला. सांगे आनी धारबांदोडा हांगा बेगीनुच अत्याधुनिक उजो पालोवपी दळाचे कार्यालय उभारतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री सावंत हांणी दिल्या. मंगळारा राष्ट्रीय उजो पालोवपी दळाच्या दिसा निमतान आयोजीत केल्ले कार्यावळींत ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. आता मेरेन ६५० आपदा मित्र आनी आपदा सखी प्रशिक्षित केल्याची म्हायती तांणी दिल्या. राज्यात अत्याधुनिक यंत्रणेसयत उजो पालोवपी दळ घटमुट कारपाची मोख राज्य सरकार दवरता अशे तांणी म्हळा. Byte

गोंय उजो पालवपी दळ आनी आपप्तकालिन सेवा दळ संचालनालयाचे संचालक नितीन रायकर हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगले .... Byte .

गोंय उजो पालोवपी दळ आनी आप्तकालिन सेवा संचालनालयान गुजरात, महाराश्ट्र, दिल्ली, राजस्थान, बिहार, केरळ, दमण आनी दिव, जम्मु आनी काश्मिरच्या उजो पालोवपी दलांच्य जवानांक प्रशिक्षण दिल्याची म्हायती तांणी ह्यावेळार दिली.

DIP - 105

गोयांत 'तारे जमीन पर' मोबाईल डिजीटल तारांगण आनी एसटीईएम (STEM) शिक्षण प्रसार कार्यावळीचो सुभारंभा निमित्तान आज कुंभरजुवेंतल्या पी.एम श्री हायस्कुलांत कार्यावळ आयोजीत केला.

गोवा राज्य शैक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशदेच्या (GCERT) फुडारपणाखालच्या ह्या उपक्रमाचो उद्देश म्हळ्यार अनुभवात्मक आणि चौकशी-आधारित शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान विद्यार्थ्यांमदीं वैज्ञानिक दृष्टिकोन, जिज्ञासा आणि नाविन्यपूर्णतेक प्रोत्साहन दिवप.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० (NEP 2020) कडेन सुसंगत आशिल्ली ही कार्यावळ गोयांतल्या सरकारी आनी अनुदानित शाळांनीं पाचवे ते धावे मेरेनच्या विद्यार्थ्यांचेर लक्ष केंद्रीत करून राबयतले.

ह्या सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, आमदार राजेश फळदेसाई, शिक्षण सचीव प्रसाद लोलयेंकर, शिक्षण संचालक शैलेश सिनाय झिंगडे, जीएससीईआरटी संचालिका मेघना शेटगांवकर, शिक्षक आनी पी.एम श्री हायस्कुलाचे विद्यार्थी हजर रावतले.

Weather – 30

हवामान खात्यान 15 आनी 16 एप्रील दिसा गरमेचो यलो अलर्ट जारी केला.

राज्यांत आज चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश आनी उण्यांत उणें तापमान 25 ते 26 अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

Sports – 30

गोय क्रिकेट संघटणेन आयोजीत केल्ली गोंय प्रिमीयर लीग क्रिकेट सर्त 22 ते 30 एप्रील ह्या कालावधीत जातली. मॅची पर्वरी क्रिकेट अकादमी आनी सांगें क्रिकेट अकादमीच्या मैदानाचेर जातल्यो. दर दिसा दोन मॅची जातल्यो. फायनल पर्वरी क्रिकेट अकादमीचेर जातली.